१७-०२-२०२५

सकाळी : ८.४०

राश्ट्रीय खबरो :

**मोदी NSD 165**

२०३० मेरेन कापड निर्यात सध्याच्या तीन लाख कोटी रुपयांवेल्यान नऊ लाख कोटी रुपयांमेरेन वाडोवपाचे सरकाराचे मुखेल हेत आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळा. नवी दिल्लीतल्या भारत मंडपमात आयोजित केल्या भारत टेक्स २०२५ मेळाव्यात ते उलयताले. देशाच्या कापड आनी वस्त्र निर्यातीत फाटल्या वर्सा सात टक्के वाढ जाली अशें हेवेळार प्रधानमंत्र्यांनी सांगले. भारत आयज कापड आनी वस्त्र निर्यातदार देशांपेकी सवो सगळ्यांत व्हड देश आसा. भारत उच्च दर्जाच्या कार्बन फायबरच्या निर्मितीच्या दिकेन मुखार वता. वस्त्रोद्देग क्षेत्राखातीर कुशल प्रतिभा निर्माण करपाचेर सरकार काम करता अशेय तांणी सांगले., भारताची सांस्कृतिक विविधताय देशाच्या वेगवेगळ्या वाठारातल्यान येवपी कापडांत दिसून येता अशेंय ते उलयले. शेती, फायबर, फॅब्रिक, फॅशन आनी परदेश हे एक मिशन जाला जे भारताच्या विकासाच्या क्षेत्रांचो विस्तार करता. हातमाग कारागिरांची कुशळताय पूराय संवसारामेरेन पावपाक जाय आनी तांच्यो क्षमता आनी संधी लेगीत वाढुंक जाय अशेंय मोदी हांणी म्हळे. फाटल्या धा वर्सात हातमागांक उर्बा दिवपाक

२,४०० परस चड व्हड मार्केटिंग कार्यावळी आयोजित केल्ल्यो अशीय म्हायती हेवेळार प्रधानमंत्र्यांनी दिली.

**आयुष NSD 120**

आयुष मंत्रालयान २०२५ वर्साच्या आंतरराष्ट्रीय योग दिसाच्या आवृत्तीखातीर प्रतिष्ठित प्रधानमंत्री योग पुरस्कारांखातीर नामांकना मागयल्यात. हे पुरस्कार राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय पावंड्यार योगाच्या प्रचार आनी विकासात महत्त्वपूर्ण आनी शाश्वत योगदान दिवपी व्यक्ती आनी संस्थांक दितात.

या क्षेत्रात अनुकरणीय योगदानाची तोखणाय करप, रोग प्रतिबंधक, भलायकी संवर्धन आनी जीणशैलीकडेन संबंधित विकारांच्या वेवस्थापनात योगाची भूमिका आनीक घटमूट करप हे ह्या प्रधानमंत्री योग पुरस्कारांचे मुखेल हेत आसा. हे पुरस्कार राष्ट्रीय व्यक्ती, राष्ट्रीय संघटना, आंतरराष्ट्रीय व्यक्ती आनी आंतरराष्ट्रीय संघटना श्रेणींत प्रदान करतले. दरेका जैतीवंतांक ट्रॉफी, प्रमाणपत्र आनी २५ लाख रुपयांचो रोख पुरस्कार मेळटलो.

अर्ज करपी व्यक्तींची पिराय ४० वर्सां वा तेपरस चड आसुंक जाय आनी योग प्रचारात किमान २० वर्सां समर्पित सेवा आसची गरजेची. अर्ज आनी नामांकना ह्या वर्सा ३१ मार्च वा ताचे आदी MyGov प्लॅटफॉर्मा वरवी सादर करपाक मेळटली.

आदिवासींNSD 190

फाटल्या १० वर्सात आदिवासींच्या सर्वांगीण उदरगतीखातीर खुपशी प्रभावी पावला उखलल्यात हाचेर राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी उजवाड घालो. काल नवी दिल्लीत आदि महोत्सव २०२५ चे उक्तावण करताना राष्ट्रपती मुर्मू उलयताल्यो. देशातल्या आदिवासी लोकांच्यो परंपरा आनी राहणीमान देशाच्या संस्कृतीक समृद्ध करता. ह्यावर्साच्या अर्थसंकल्पात आदिवासी कल्याणाखातीर तिप्पट तरतूद केल्या. आदिवासी समाजाची उदरगत जाली तरुच देश विकसित जातलो अशें राश्ट्रपतीनी म्हळे. आदिवासी समाजाची नेटान उदरगत करपाक भोवआयामी यत्न करतात अशेंय तांणी म्हळे.

आदिवासी समाजाची हस्तकला, अन्न, पोशाख आनी दागिने, वैजकी पद्धत, घरगुती उपकरणा आनी खेळ हे देशाचे मौल्यवान दायज आसात, अशेंय राष्ट्रपतीनी म्हळे. आकाशवाणीच्या प्रतिनिधीन दिल्या म्हायतीप्रमाण, आदिवासी वेव्हार मंत्रालय कालसावन २४ फेब्रुवारी मेरेन आदि महोत्सवाचे आयोजन करता. भारतातल्या आदिवासी समुदायांची चैतन्यशील संस्कृती, दायज आनी आर्थिक क्षमता मनोवप आनी प्रदर्शित करप हे ह्या आदि महोत्सवाचे मुखेल हेत आसा. मेजर ध्यानचंद राष्ट्रीय स्टेडियमात आयोजित ह्या महोत्सवात ६०० परस चड आदिवासी कारागीर, ५०० कलाकार आनी २५ आदिवासी खाद्यपदार्थांचे स्टॉल्स आसात. ३० परस चड राज्या आनी केंद्रशासित प्रदेशांच्या वेगवेगळ्या परंपरांचे प्रतिनिधित्व करपी हे स्टॉल्स आसात. आदि महोत्सवाचे मुखेल आकर्षण म्हळ्यार वेगवेगळ्या राज्यांतल्या आदिवासी कारागिरांची थेट प्रात्यक्षिका आनी

राज्य आनी आंतरराष्ट्रीय मंडपांत अद्‌वितीय आदिवासी हस्तकला प्रदर्शित करतात. भारतातल्या आदिवासी समुदायांखातीर शाश्वत उपजीविकेच्यो संद निर्माण करपाच्या मोहिमेअंतर्गत हो महोत्सव एक महत्त्वाचो उपक्रम आसा.

जयशंकर - १५०

विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांणी काल ओमानची राजधानी मस्कटात जाल्या हिंद महासागर परिषदेच्या फाट्‌भूंयेर मॉरिशस, मालदीव, नेपाळ, भूतान आनी श्रीलंकेच्या समपदेस्तांकडेन बसका घेतल्यो. डॉ. जयशंकर हांणी मॉरिशसचे तांचे समपदेस्त  धनंजय रितिश रामफुल हांचेकडेन जाल्या भेटीवेळार, दोनूंय राष्ट्रांमदले तांचे "खासा इश्टागतीचे बंध" आनीक घटमूट करपाच्या वचनबद्‌धतायेचेर भर दिलो. डॉ. जयशंकर हाची रामफुल हांचेकडेन जाल्ली ही पयलीच भेट आशिल्ली. विदेश मंत्र्यांनी मालदीवचे तांचे समप्देस्त अब्दुल्ला खलील हांचेकडेन जाल्ल्या भेटीवेळार भारत-मालदीव सहकार्याच्या खूपश्या पैलूंचेर चर्चा केली. श्रीलंकेचे विदेश वेव्हार मंत्री विजेता हेराथ हांचेकडेन डॉ. जयशंकर हांणी दोनूंय राष्ट्रांमदल्या व्यापक सहकार्याचेर चर्चा केली. तांणी श्रीलंकेच्या आर्थिक पुनर्प्राप्ती आनी उदरगतीखातीर भारताची वचनबद्‌धताय लेगीत उक्तायली.

ओमानच्या ह्या भेटीवेळार, जयशंकर हांणी हिंद महासागर परिषदेच्या निमतान ओमान, ब्रुनेई आनी इराणातल्या विदेश वेव्हार मंत्र्यांचीय भेट घेतली. तांणी बांगलादेशचे विदेश वेव्हार सल्लागार मोहम्मद तौहिद हुसेन हांचेकडेनूंय बसका

घेतली. ओमानच्या विदेश मंत्रालयाच्या सहकार्याने इंडिया फाउंडेशन वरवी १६-१७ फेब्रुवारी २०२५क मस्कटात ह्या  ८व्या हिंद महासागर परिषदेचे आयोजन केला.

भूंयकाप -  ६०

आयज सकाळी नवी दिल्ली आनी उत्तर भारतातल्या खूपश्या वाठारात ४.० इतल्या तीव्रतेचा भूंयकाप जालो. राष्ट्रीय भूंयकापशास्त्र केंद्राच्या म्हणण्याप्रमाण, ही घडणूक फातोडेर ५:३६ मिनटांचेर जाली.  ताचे केंद्र दिल्लीलागसार पाच किलोमीटर खोलायचेर आसा, अशें म्हळा. दिल्ली, नोएडा, इंदिरापुरम आनी एनसीआरच्या हेर वाठारात जाल्ल्या भूंयकापाचे केंद्र २८.५९ उत्तर अक्षांश आनी ७७.१६ पूर्व रेखांशाचेर आशिल्ले अशें राष्ट्रीय भूंयकापशास्त्र केंद्रान कळीत केला. हातूंत मालमत्तेचे लूकसाण वा जीव वगडावपाची घडणूकेची कसलीच खबर ना .

कतार अमीर - ९०

कतारचे अमीर, महामहिम शेख तमीम बिन हमद अल थानी, आयजसावन दोन दिसांच्या भारत दौऱ्यार येतले. हेवेळार ते प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीं हांचेकडेन चर्चा करतले. तांच्यावांगडा मंत्री, वरिष्ठ अधिकारी आनी वेवसायिक शिष्टमंडळांचो आस्पाव आशिल्ले उंचेल्या पावंड्यावेले शिष्टमंडळ आसतले. कतारच्या अमीरच्या भेटीक लागून वाडट्या भोवआयामी भागीदारीक आनीक चालना मेळतली, अशें विदेश मंत्रालयान एका निवेदनात म्हळा. भारत आनी कतार हांच्यामदी इश्टागत, विस्वास आनी परस्पर आदराचे खोल इतिहासिक संबंध आसात. कतारच्या अमीरचो हो दुसरो भारत दौरा आसतलो. हेआदी तांणी मार्च २०१५ त भारत भोवंडी केल्ली. हालीच्या काळात दोनूंय देशांमदले  व्यापार, गुंतवणूक, ऊर्जा,

तंत्रगिज्ञान, संस्कृती आनी लोकांमदले संबंध घट्मूट जाल्यात अशेंय विदेश मंत्रालयान म्हळा.

Payal 125

पायल कापाडियाच्या "ऑल वी इमेजिन अॅज लायट" ह्या सिनेमाक बाफ्टाच्या ७८व्या आवृत्तींत पुरस्कार मेळूंक ना. हो सिनेमा उत्कृश्ट इंग्लीश भाशेचो सर्वोत्कृष्ट चित्रपटाच्या श्रेणीत सर्तीक आशिल्लो, पूण स्पॅनिश भाशेंतल्या फ्रेंच संगीतमय गुन्यांवकारी नाटक "एमिलिया पेरेझ" ह्या फ्रेंच चित्रपटाकडच्यान ताका हार खावंची पडली. कापाडिया आनी भारता खातीर हो तिसरो व्हड धक्को आशिल्लो, कारण ह्या वर्साचे सुरवेक गोल्डन ग्लोब आनी क्रिटिक्स चॉयस अॅवॉर्ड्सांतय ह्या सिनेमाक कसलोच पुरस्कार मेळूंक ना.

पूण तरीय ‘ऑल वी इमेजिन अॅज लायट’ फिल्मान महत्त्वपूर्ण ओळख मेळयल्या आनी आंतरराष्ट्रीय चित्रपट खळबळ घाल्या. २०२४ वर्सा कान फिल्म महोत्सवांत प्रतिश्ठीत ग्रॅण्ड प्रिक्स जिखपी हो पयलो भारतीय चित्रपट थारला.

कानी कुश्रुती, दिव्या प्रभा आनी छाया कदम हांणी मुखेल भुमिका केल्ल्या ह्या सिनेमांत दर्यादेगेवेल्या शारांतल्या भोंवडे वेळार एका अडचणीत सापडलेल्या नर्स आनी तिच्या तरणाटो रूममेट हांची भावनांची मार्मिक काणी सांगल्या.

PM 50

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपांत आयोजित केल्ल्या भारत टॅक्स कार्यावळीत वांटो घेतलो.

भारत टॅक्स हें कापड उद्देगाचें जागतीक प्रदर्शन आयज मेरेन चालू आसतलें. कच्चो म्हाल ते तयार उत्पादनां मेरेन कापड साखळेंतल्या सगळ्या

उत्पादनांचे  हातूंत प्रदर्शन जाता. प्रदर्शना वांगडाच वेगवेगळे परिसंवाद आनी प्रशिक्षण कार्यावळीय सुरू आसात.

मंत्री अश्विनी वैष्णव 80

उण्या आनी मध्यम उत्पन्ना गटांचेर लक्ष केंद्रीत केल्ल्यान अर्थवेवस्था नेटान वाडपाक मजत जाल्या अशें म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी दिल्या .

सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देग आनी शेतकारांक चालना दिवप, तशेंच उण्या आनी मध्यम उत्पन्नाच्या गटांचेर लक्ष केंद्रीत केल्ल्यान सगळ्या क्षेत्रांच्या सर्वांगीण उदरगतींत मदत जाल्या अशें बेंगळुरूंत पत्रकारां कडेन उलयतना तांणी सांगलें .

करांत व्हड प्रमाणांत कपात केल्ल्यान मध्यम वर्गाक फायदो जाला अशेंय मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें.

क्रिकेट - ११०

बायलांच्या प्रीमियर लीग २०२५ सर्तीत, काल राती वडोदरातल्या कोटाम्बी स्टेडियमात जाल्ल्या खेळात  गुजरात जायंट्स पंगडान   यूपी वॉरियर्स पंगडाक ६ गड्यांनी हारयले. गुजरात जायंट्स पंगडान कुरुबावलो जिकून पयली गोलंदाजी करपाचो निर्णय घेतलो. यूपी वॉरियर्स पंगडान निर्धारित वीस षटकांत ९ बाद १४३ धावंड्यो केल्यो.  कर्णधार दीप्ती शर्मान ३९ धावंड्यो केल्यो. उमा छेत्रीन २४ धावंड्यो केल्यो. गुजरात जायंटसच्या प्रिया मिश्रान तीन गडे बाद केले. कर्णधार ॲशले गार्डनर आनी डिएंड्रा डॉटिन हांणी दरेकी दोन गडी बाद केले. उपरांत १४४

धावंड्यांचे मोख गुजरात जायंट्स पंगडान १८ षटकांत स गडे वगडावन हुंपले. कर्णधार ॲशले गार्डनर हिणे ५२ धावंड्यांचे योगदान दिले. आयज दिल्ली कॅपिटल्स पंगड रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू पंगडा आड खेळतलो होईल. हो खेळ सांजे ०७:३०क सुरू जातलो.